## भलायकी मंत्र्याची शिवोलीच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राक भेट

ता. 15 मे 2017
25 वैशाख 1939

भलायकीमंत्री श्री. विश्‍वजित राणे हांणी आयज उदकास्त्रोतमंत्री श्री.विनोद पालयेकर हांच्या सयत शिवोलीच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राक भेट दिवन केंद्रातल्या सुविधांची पळोवणी केली.

श्री. राणे हांणी भलायकी केंद्राच्या विस्तार इमारतीच्या बंद आशिल्ल्या बांदकामाची भौशिक बांदकाम खात्याच्या अधिका-या वांगडा पळोवणी करून अधिका-याक बांदकाम परत सुरू करून ते शक्य जाता तितले बेगीन पूराय करपाचो आदेश दिलो.

ते उपरांत मंत्र्यान भलायकी केंद्राचे डॉक्टर आनी कर्मचा-यांची बसकां घेवन भलायकी केंद्रात उपचाराखातीर येवपी लोकांक बरी सेवा दिवपाचो सल्लो दिलो.

भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, वैजकीय अधिकारी डॉ. जुजे डिकॉस्ता, डॉ. उमाली केरकर आनी हेर अधिकारी हे वेळार हजर आशिल्ले.